**Panaji Regional 28th September 2025 7.25am**

**Maan Ki Baat**

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आज सकाळीं 11 वरांचेर आकाशवाणी वेल्या 'मन की बात' कार्यावळीं वरवीं देश विदेशांतल्या लोकां कडेन संवाद सादतले. हो ह्या म्हयन्याळ्या रेडिओ कार्यावळीचो 126वो भाग आसतलो. आकाशवाणी आनी दूरदर्शनाच्या पुराय नेटवर्काचेर, AIR News वेबसायटीचेर आनी Newsonair मोबायल ॲपाचेर ही कार्यावळ प्रसारीत जातली. तशेंच AIR News, डीडी न्यूज, पीएमओ आनी म्हायती आनी प्रसारण मंत्रालयाच्या युट्युब चॅनलांचेर ताचे थेट प्रसारण जातले. हिंदी प्रसारणा उपरांत रोखडेंच आकाशवाणी प्रादेशिक भाशांनी ही कार्यावळ प्रसारीत करतली.

-------------------------------------------

**म्हजे घर येवजण**

म्हजे घर येवजण 4 ओक्टोबराक केंद्रीय गृहमंत्री अमीत शाहा हांच्या हस्तुकी लॉच जातली. ही कार्यावळ श्यामा प्रसाद मुर्खजी सभाघरात सांजेंच्या 4 वराचेर जातली, अशी माहिती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी काल live interaction च्या माध्यमातल्यान दिली.

4 ओक्टोबरा उपरातं म्हजे घर येवजणे वरवी घरा कायदेशीर करपाखातीरचे अर्ज उपलब्ध जातले. 6 म्हयन्याभितर हे अर्ज भरुन दिवपाची मुजत सरकारान दवरल्या. सुवातीचे मोल कितेल ते कांय दिसानी सरकार अधिसुचित करतले अशी म्हायती ह्यावेळरा मुखेलमंत्री सावंत हाणी दिली. रान हक्क दावे, जमनिच्यो सनदी वाटपाची कार्यावळ लेगीत 4 ओक्टोबराक जातली अशी म्हायती तांणी दिल्या.

-------------------------------------------

**स्वंयपुर्ण गोंय**

स्वंयपुर्ण गोंय ह्या मोहिमेक 2 ओक्टोबराक 5 वर्सा पुराय जातात. स्वयंपुर्ण गोंय करपाक स्वंयपुर्ण मित्रांनी केल्ली कामगिरी तुस्त करपासारकी आसा. ताका लागुन सादऩ सुविदा सयत, मनशाची उदरगत करपाच्या नदरतेल्यान महत्वाचे काम जाला अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. Byte CM

स्वंयपुर्ण मित्रांक तांचे काम नेटान फुडे सुरु उरचे म्हण एक रकमी 50 हजार रुपया मानधन दिवपाचो निर्णय सरकारान घेतला अशी म्हायती सावंत हांणी

दिल्या.    सेवा पकवाडाच्या फांटभुयेंर आयोजित केल्लया थेट संवादावेळार मुखेलमंत्र्यानि ही माहिती दिल्या.

-------------------------------------------

**रोहन खंवटे**

गोंय पर्यटनांक संसांरभरातल्या पर्यटकाकंडल्यान प्राधान्य मेळटा. पोरु परस अंदु 2025 च्य पयल्या 6 म्हयन्यात गोंयांत पर्यटक येवपाचो आकडो वाडला. गोंय पर्यटन आता फकत sun, sand and sea पुरतेच मर्यादित उरुंक ना, जाल्यार spiritual, wellness, adventure, rural, culinary, खेळांचे केंद्र आशिल्ले पर्यटन थंळ जाला अशे गोंय पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे हांणी म्हणला. ते जागतिक पर्यटन दिसाच्या फांटभुयेरं पणजेत पर्यटन जाळवणदारांच्या परीशदेच्या उक्तावण केल्या उपरांत उलयताले.

-------------------------------------------

**कायदो जागृताय शिबिरां**

साश्टी तालुक्यांत काल जाल्ल्या कायदो जागृताय शिबिरांत जायत्या जाणांक रोखडेंच राबितो प्रमाणपत्र, जमीन खरेदी सनद, म्युटेशन प्रमाणपत्र, तशेंच जात आनी उत्पन्न प्रमाणपत्रां वांटली. हे शिबीर मडगावच्या जिल्हाधिकारी कार्यालयात उपजिल्होधिकारी गणेश बरवे हांच्या मार्गदर्शना खाला जालें. भौशीक बांदकाम, शार नियोजन, सीआरझेड ह्या सारक्या सरकारी खात्यांतल्या अधिकाऱ्यां सयत जिल्होधिकारी कार्यालयाचे अधिकारी आनी कर्मचारी हाजीर आशिल्ले.

-------------------------------------------

**Weather**

शेनवारा राज्यांत दीसभर पावस चालूच उरलो. हवामान खात्यान 28 सप्टेंबर ते 1 ऑक्टोबर ह्रा काळांत मध्यम पावस पडपाची शक्यताय उक्तायल्या. ते प्रमाण ह्या चार दिसां खातीर येलो अलर्ट जारी केला. गोय वेधशाळेन उक्तायल्ल्या अदमासा प्रमाण आज राज्यांत चडांत चड तापमान 29 degrees celcius आनी उण्यात उणे तापमान 24degrees celcius इतले आसतले.

-------------------------------------------

**Cricket**

भारत आनी पाकिस्तान ह्या पंगडां मदीं आयज दुबयत आशिया करंड क्रिकेट सर्तीची फायनल जातली. ही मॅच भारतीय वेळा प्रमाण सांजवेळा 8 वरांचेर सुरु

जातली. आशिया कपाच्या 41 वर्सांच्या इतिहासांत पयले खेपे भारत आनी पाकिस्तान ह्या पंगडां मदीं फायनल जाता. भारतान आठ खेपे ही सर्त जिखल्या.

------------------------------------------